गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक 02 वर्स 2026**

**13.02. 2026 दिसा प्रकाशीत केल्या**

सकयल दिल्ल्यां पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

**सगळ्या पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 27. 02. 2026 आसा.**

ऑनलायन अर्ज करपा खातीर आयोगाचें संकेतथळ https://gpsc.goa.gov.in वा गोंय सरकाराचें पोर्टल https://cbes.goa.gov.in. चेर पळोवचें.

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां आनी भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार ह्या गट 'ए' पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारशीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

**टीप:1)** अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें, अर्ज शुल्क भरचें पडटलें.

**ए) ऑनलायन**

- ऑनलायन फारीकणी करची.
- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

**बी) ऑफलायन**

- ई- चलन निर्माण करचें.
- गोंयांत आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय फांट्यांत फकत निमाणे तारखेक वा ताचें आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधताय ई-चॅलन निर्माण जाल्या उपरांत सात दीस मेरेन आसतली)
- ह्या ई- चॅलनाचेर बँकेचो शिक्को गरजेचो आसा.
- अर्ज सादर करपाचे निमाणे तारखेक वा ताचे आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत शिक्को मारिल्लें ई - चॅलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाल्या उपरांतूच उमेदवारांक आपलो अर्ज डावनलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणे तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लो अर्ज रोखडोच न्हयकारतले आनी हे फारीकणीचो परतावो जावचो ना.

4) अर्जांत उमेदवाराचो ईमेल नामो आनी मोबायल क्रमांक चुकयनासतना दिवंक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्ज संबंदीत सगळे संपर्क ईमेल पत्त्याचेर /मोबायल क्रमांकांतल्यान धाडटलो. सगळ्या

उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवणी खातीर तांचे ईमेल/खातें/ मोबायल फोन/आयोगाची वॅबसायट नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

**टीप: जायरातीचे अणकारींत आवृत्तींत कसल्योय विसंगती दिसल्यार इंग्लीश आवृत्ती हीच प्रमाणीत अशें मानतलें.**

**I.पशू संवर्धन आनी पशू वैजकीय सेवा संचालनालय**

**डीन, गोंय पशू वैजकीय आनी पशू विज्ञान महाविद्यालय ....1 पद (अनारक्षीत)**

**वेतन त्रेणी:** स्तर-14 + 20% गैर सराव भत्तो

**पिरायः** 55 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः -**

**आवश्यकः** (i) भारतीय पशू वैजकीय मंडळान मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान वा महाविद्यालयांतल्यान उण्यांत उणें 55 टक्के गुणां सयत पशू वैजकीय आनी पशू विज्ञानांतले खंयचेय शाखेंतली पदव्युत्तर पदवी वा गुण प्रमाणांत तत्सम. ii) पशू वैजकीय आनी पशू विज्ञानाचे खंयचेय शाखेंत पीएचडी. (iii) भारतीय पशू वैजकीय मंडळ/राज्य पशू विज्ञान मंडळांत नोंदणी. (iv) विद्यापिठां/महाविद्यालयां/उच्च शिक्षण संस्था/भारतीय कृषी संशोधन मंडळ (आयसीएआर) हातूंत प्राध्यापक/सहयोगी प्राध्यापकाच्या केडर वा अश्या तत्सम केडर अध्यापन/संशोधनाचो उण्यांत उणो पंदरा वर्सांचो अणभव. (v) विद्यापीठ अनुदान आयोगाच्या (यूजीसी) वेळवार जारी केल्ल्या सुचोवण्या प्रमाणें संशोधन प्रकाशनां आनी संशोधन गूण.(vi)कोंकणीचें गिन्यान.

**ऐच्छिकः** मराठीचें गिन्यान.

**II.भौशीक भलायकी खातें**

**गोंय वैजकीय महाविद्यालय**

**व्याखातें-**

**I. सर्वसामान्य शस्त्रक्रिया (General Surgery) ... 7 पदां (04 अनारक्षीत, 02-ओबीसी खातीर आरक्षीत, 01 एसटी खातीर आरक्षीत)**

**II. बालरोग (Paediatric) ...3 पदां (01 अनारक्षीत, 01 एसटी खातीर आरक्षीत, 01 ओबीसी खातीर आरक्षीत)**

**III. ऍनेस्थेसियोलॉजी (Anaesthesiology)...3 पदां (01 अनारक्षीत, 01 एसटी खातीर आरक्षीत, 01 ओबीसी खातीर आरक्षीत)**

**IV. सर्वसामान्य मॅडिसीन (General Medicine) ... 6 पदां (03 अनारक्षीत, 01 एससी खातीर आरक्षीत, 01 एसटी खातीर आरक्षीत, 01 ओबीसी खातीर आरक्षीत**

**V.ऑथारिनोलॅरिगोलॉजी (ईएनटी) (Otarhinolaryology (ENT) ... 1 पद (अनराक्षीत)**

**VI. रेस्पिरेटरी मॅडिसीन (Respiratory medicine) (टी.बी. आनी छाती) ...2 पदां (01 अनारक्षीत, 01 ओबीसी खातीर आरक्षीत)**

**VII. रेडिओडायग्नोसीस (Radiodiagnosis) ...1 पद (ओबीसी खातीर आरक्षीत)**

**VIII. रेडियेशन ओनकोलोजी (Radiation Oncology) .... 1 पद (अनराक्षीत)**

**IX. त्वचा रोगशास्त्र, विनिरीयॉलॉजी आनी त्वचा रोग (Dermatology, venereology &**

**leprosy) (त्वचा आनी वीडी) .....1 पद (अनारक्षीत)**

**X. ओर्थोपॅडीक शस्त्रक्रिया (Orthopaedic Surgery) .... 3 पदां (01 अनारक्षीत , 01 एसटी खातीर आरक्षीत , 01 ओबीसी खातीर आरक्षीत)**

**XI. नेत्रतज्ञ (Opthalmology) .... 2 पदां (01 अनारक्षीत , 01 ओबीसी)**

**XII. ओबस्टेट्रीक्स आनी अस्तुरी रोगतज्ञ (Obsterics & Gynaecology)..... 2 पदां (01 अनारक्षीत , 01 एसटी खातीर आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणीः** रू. 15,600-39,100+ 6,600/-(पूर्व- सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें)
**पिरायः** 45 वर्सां परस उणी.
**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः -**
**आवश्यकः** (i)भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसर्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102)च्या कलम 13 पोट-कलम (3)त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii)राष्ट्रीय वैजकी आयोग (आदलें भारतीय वैजकी मंडळ) मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय/संस्थे कडल्यान संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्यूत्तर पदवी. (iii) आवश्यक पदव्युत्तर पदवी उपरांत मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय/शिक्षणीक संस्था आसा, तातूंत वरिश्ठ निवासी /निबंधक/ अनुशिक्षक ( Tutor)/ निदर्शक म्हूण संबंदीत विशेशतायेंत तीन वर्सां शिकोवपाचो अणभव आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.
**ऐच्छिकः-** मराठीचें गिन्यान.

## भलायकी सेवा संचालनालय

**वैजकी कायदेशीर अधिकारी ... 3 पदां (02 अनारक्षीत आनी 01 ओबीसी खातीर आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणीः** मॅट्रीक्स टप्पो 11 प्रमाणें **पिरायः** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः -**

**आवश्यकः**(i) भारतीय वैजकी य मंडळ अधिनेम, 19 56 (केंद्रीय अधिनेम 19 56 चो 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II ( सनद पात्रताय सोडून ) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी य पात्रताय . तिसर्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकीय मंडळ अधिनेम, 1956 (1956 चो 102) च्या कलम 13 पोट कलम (3)त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय.
(ii) संबंदीत क्षेत्रांत पदव्युत्तर पदवी/पदविका पात्रताय.

iii) पदव्युत्तर पदविधारकां चे बाबतींत पदव्युत्तर पदवी उपरांत संबंदीत पदाचेर 3 वर्सां काम करप आनी पदव्युत्तर पदविकाधारकां चे बाबतींत विशे शताये कडेन संबं दीत जबाबदार पदा चेर पदव्युत्तर पदविके उपरांत 5 वर्सां काम करप. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिकः-** मराठीचें गिन्यान.

## III. तंत्रीक शिक्षण संचालनालय

**सरकारी तंत्रनिकेतन (Government Polytechnic)**

**1. व्याख्याते-**

**I. नागरी अभियांत्रिकी .... 2 पदां (अनारक्षीत)**

**II. यांत्रिकी अभियांत्रिकी ....1 पद (अनारक्षीत )**

**वेतन श्रेणी:** सुदारीत मॅट्रिक्स टप्पो 9A प्रमाणें **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय**

**आवश्यक –**(i) अभियांत्रिकी /तंत्रगिन्यानाच्या संबंदीत फांट्यांत पयले श्रेणीं त पदव्युत्तर पदवी वा अभियांत्रिकी /तंत्रगिन्यानाच्या संबंदीत फांट्यांत पयले श्रेणींत पदवीधर पदवी.

**टीप:** वयर दिल्ल्या उद्देशा खातीर “योग्य फांटो” म्हणल्यार ज्या फाट्यांत पद भरपाचें आसा तो फांटो वा जंय आसपावीत आशिल्ल्या विशयाची समानता दाखोवं येता अशे हेर फांटे.

(ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक :–** मराठीचें गिन्यान.

**2. व्याख्याते-**

**I. रसायनशास्त्र ...1 पद (अनारक्षीत )**

**II. गणीत ...1 पद (अनारक्षीत )**

**वेतन श्रेणी:** सुदारीत मॅट्रिक्स टप्पो 9A प्रमाणें **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय**

**आवश्यकः** (i) मानविकी आनी विज्ञानाचे योग्य शाखेंत उण्यांत उणी प्रथम श्रेणी सयत पदव्युत्तर पदवी.

**टीपः** 'योग्य शाखा' म्हणल्यार गणीत, भौतीकशास्त्र, रसायनशास्त्र, इंग्लीश, भूगर्भशास्त्र ह्या सारकिल्ले विशय.

(ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक :–** मराठीचें गिन्यान.

## IV. कार्मिक खातें

**मामलतदार /जोड मामलतदार /दक्षताय अधिकारी (Mamlatdars/Jt.Mamlatdar/Vigilance Officer)... 6 पदां (2- अनारक्षीत , 2- ओबीसी , 1-एसटी ,1-ईडब्ल्यूएस )**

**वेतन श्रेणीः**मॅट्रीक्स टप्पो 7 प्रमाणें **पिरायः** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः -**

**आवश्यकः** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान कायद्याची पदवी (ii)स्थानीक महसूल कायदे, कायदो आनी सुवेवस्था सांबाळूंक शासकीय कायदे, नियोजन आनी विकास कामाचें गिन्यान आसूंक जाय.

(iii)कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिकः-** मराठीचें गिन्यान